**Panaji NATIONAL NEWS 13.06.2026 @ 8.40 AM**

बायलांचो वाडत आशिल्लो सहभाग संद मेळपाचे नवे मार्ग उक्ते करपाक लागला आनी देश भरांतल्या उदरगतीच्या मळार बदल घडोवन हाडटा अशें प्रधानमंत्री मोदी हांणी म्हणला

रेल्वेमंत्री अश्विनी यांनी भारतीय रेल्वेच्या वरिष्ठ अधिकाऱ्या वांगडा रेल्वे भरती मंडळ(RRB) च्या भरती प्रक्रियेबाबत उच्चस्तरीय आढावा बसका घेतली.

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज सांजवेळा फ्रांसांतल्या नाइस शारांत पावतले आनी फ्रांस आनी स्लोव्हाकियांतल्या दोन राश्ट्रांच्या युरोपीय भोंवडेक सुरवात करतले

भारत आनी अफगाणिस्तान पंगडामदल्या तीन एकादिसाच्या आंतरराश्ट्रीय क्रिकेट खेळामाळेतलो पयलो खेळ आयज हिमाचल प्रदेशातल्या धरमशालात जातलो. तर आयज सिडनींत जावपी ऑस्ट्रेलियन ओपन सर्तीच्या बायलांच्या एकोडी सर्तींत भारताची पीव्ही सिंधु जपानाची संवसारीक विजेती अकाने यामागुची हांचे आड खेळतली.

**प्रधानमंत्री 90**

अर्थीक समावेश आनी उद्देजकते सावन शिक्षण, भलायकी, नितळसाण, घर, खेळ, विज्ञान, आनी शासन हांचे मेरेन विंगड विंगड वाठारानी बायलांचो म्हत्वाचो वांटो आसा अशें मत प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी उक्तायळा.ड्रोन तंत्रगिन्याना सारक्या उदरगतशील मळार बायलांचो वाडत आशिल्लो सहभाग संद मेळपाचे

नवे मार्ग उक्ते करपाक लागला आनी देश भरांतल्या उदरगतीच्या मळार बदल घडोवन हाडटा अशें प्रधानमंत्री मोदी हांणी म्हणला.फाटल्या 12 वर्सांत एनडीए सरकारान बायलांच्या फुडारपणा खाला उदरगत फुडें व्हरपा खातीर वावर केला आनी हें क्षेत्रां मदीं दिसता अशें तांणी नदरेक हाडलें. बायलांक अर्थीक नदरेन स्वतंत्र जावपाक मजत करपी सेल्फ हेल्प गटांक सरकार सक्रीयपणान आदार दिता अशें तांणी सांगलें.

जयशंकर 60

परराश्ट्र मंत्रीडॉ. एस. जयशंकर हाणी अमेरिकेचे विदेश सचीव मार्को रुबियो हांचे कडे उलयतना अमेरिकेच्या नौदलान आखातांत केल्ल्या हल्ल्यांत तीन भारतीय खलाशी मरण पविल्याचो खर निशेध केलो. सोशल मिडिया प्लॅटफॉर्माचेर पोस्ट करतना डॉ जयशंकर हांणी वेपारी जहाजांचेर प्राणघातक कारवायो समर्थनीय नाअशें म्हणलां. ओमान दर्यादेगेर पॅलाऊ ध्वजांकित टँकर 'एमटी सेट्टेबेलो'चेर अमेरिकेन हल्लो केल्या उपरांत तीन भारतीय खलाश्यांक मरण आयिल्ल्या च्या फाटभुयेर नवी दिल्लीन खर प्रतिक्रिया दिल्या .

वैष्णव 130

रेल्वेमंत्री अश्विनी यांनी भारतीय रेल्वेच्या वरिष्ठ अधिकाऱ्या वांगडा रेल्वे भरती मंडळ(RRB) च्या भरती प्रक्रियेबाबत उच्चस्तरीय आढावा बसका घेतली. या बसकेत, वैष्णव यांनी नमूद केले की, वरसुकी भरती वेळापत्रक आणि त्यावांगडाच रिक्त जागांबाबतच्या त्रैमासिक सूचनांक उमेदवारांकड च्यान बरो प्रतिसाद मेळा. वेळापत्रकार आधारित भरती आराखड्यान उमेदवारांक त्यांच्या तयारीचे अधिक प्रभावीपणान नियोजन करप शक्य

झाले, असे ताणी म्हणाले. सतत सुधारणेच्या गरजेवर भर दित,. वैष्णव यांनी सांगले की, तंत्रज्ञानाचो वापर, जलद प्रक्रिया आणि अधिक उत्तरदायित्व यावरवी रेल्वे भरती प्रणालीत सातत्यान सुधारणा गरजेचे आसा मंत्र्यांनी रेल्वे भरती मंडळाक उमेदवार आणि संबंधित घटक (स्टेकहोल्डर्स) कडे संवाद अधिक घट्ट करण्याचे निर्देशय दिले. चुकीच्या माहितीची योग्य माहिती दिवन बेगोबेग प्रत्युत्तर दिवंक जाय असे ताणी म्हणाले.रेल्वे मंत्रालयान एका निवेदनात माहिती दिली की, भारतीय रेल्वेने आर्थिक वर्ष २०२५-२६ त स प्रमुख श्रेणींत ४७ हजारा परस अधिक रिक्त जागां खातीर भरती प्रक्रिया पूर्णकरून ४३ हजारांहून चड उमेदवारांची भरती केल्या

मोदी 80

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज सांजवेळा फ्रांसांतल्या नाइस शारांत पावतले आनी फ्रांस आनी स्लोव्हाकियांतल्या दोन राश्ट्रांच्या युरोपीय भोंवडेक सुरवात करतले. 2014 उपरांत प्रधानमंत्र्यांचो हो सातवो अधिकृत दौरा आणि ताका खाशेलें राजनैतिक म्हत्व आसा - ह्या वर्साचे सुरवेक भारत-फ्रांस संबंदक ‘खास जागतीक सामरिक भागीदारी’ असो दर्जो मेळले उपरांत प्रधानमंत्री मोदी आनी फ्रान्सचे राष्ट्राध्यक्ष इमान्युएल मॅक्रॉन हांचे मदीं ही पयली द्विपक्षीय शिखर परिशद आसतली. तशेंच इव्हियनांत जावपी जी-7 शिखर सभेंत प्रधानमंत्री हाजीर रावपाचे आसात, जातूंत संवसारीक मळार ‘ग्लोबल साउथ’चो अत्यावश्यक आवाज म्हूण भारताचे स्थान परत एकदा अधोरेखित जातले

राजनाथ २४०

तेलंगणातल्या हैदराबाद भेटी वेळार, संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंह यांनी 'डॉ. ए.पी.जे. अब्दुल कलाम मिसाईल कॉम्प्लेक्साचो भाग आशिल्या 'संरक्षण संशोधन आणि विकास प्रयोगशाळा (DRDL)त 'अत्याधुनिक शस्त्र प्रणाली संकुलाचे उक्तावन केले. हेवेळार उलयताना सिंह यांनी भारताची तांत्रिक उत्कृष्टता, धोरणात्मक स्वायत्तता आणि राष्ट्रीय सुरक्षा मदी महत्त्वपूर्ण योगदान दिल्याबद्दल डीआरडीओच्या 'मिसाईल सिस्टिम्स अँड स्ट्रॅटेजिक सिस्टिम्स क्लस्टर'चे कौतुक केले. 'ऑपरेशन सिंदूर' वेळार स्वदेशी क्षेपणास्त्र प्रणालींनी केल्या उत्कृष्ट कामगिरी वेल्यान भारताच्या संरक्षण संशोधन आणि विकास परिसंस्थेची  वाढती ताकद दिसून येता, असे त्यांनी ठामपणन सांगले. आकाश आणि ब्रह्मोस यांसारख्या डीआरडीओन विकसित केल्या प्रणालींनी जागतिक संरक्षण तंत्रज्ञान क्षेत्रात स्पर्धा करपाची भारताची क्षमता सिद्ध केल्या असेय संरक्षण मंत्रयान म्हणाले. शांतते खातीर सामर्थ्य आवश्यक आसा आणि त्या सामर्थ्या खातीर'आत्मनिर्भरता' ही सगळ्यात विश्वसनीय पायरी आसा हाचेर सिंह यांनी भर दिलो . 'ऑपरेशन सिंदूरत हवाई संरक्षणान दिल्या महत्त्वपूर्ण भूमिकेचो उल्लेख करताना ताणी म्हणाले की, जेन्ना देशाच्या सीमांर हवाई धोके निर्माण जाल्ले तेन्ना भारताच्या हवाई संरक्षण प्रणालीन शत्रूचे मनसुबे प्रभावीपणान ना नपयत केले. झुजपद्धतीचे वेगान बदलपी स्वरूप आणि जागतिक अनिश्चितता हाच्या फाट भुयेर राष्ट्रीय सुरक्षेचे हितसंबंध सांबाळपाक लवचिकता आणि प्रतिबंधात्मक क्षमता असपाचे महत्वही संरक्षण मंत्र्यांन अधोरेखित केले. फुडार्यातल्या आव्हानांचो फुड़ो करपाक सशस्त्र दलांक अत्याधुनिक प्रणालींनी सज्ज करण्याची गरजय त्यांनी व्यक्त केली.

.कुमारस्वामी 70

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी उत्पादन क्षेत्राचेर आदारीत उदरगत आनी रोजगार निर्मितीचेर अभूतपूर्व भर दिला अशें केंद्रीय अवजड उद्देग आनी तिख्या मंत्री एच.डी.कुमारस्वामी हांणी म्हणा.बेंगळुरूंतल्या सेंट्रल इन्स्टिट्यूट ऑफ मॅन्युफॅक्चरिंग टेक्नॉलॉजीच्या 65व्या स्थापना दिसाच्या कार्यावळींत ते उलयताले. बेंगळुरू हांगा मुखेल कार्यालय आशिल्ली केंद्रीय उत्पादन तंत्रज्ञान संस्था सामरिक क्षेत्रांतल्या संशोधनांत म्हत्वाचें योगदान दिता आनी ताची क्षमता घटमूट करपाक आनी राष्ट्रीय पांवड्यार आपली सुवात निर्माण करपाक अर्थीक आनी संस्थांचो आदार दितले अशें कुमारस्वामी हांणी सांगलें.

गुरू सांग्युसांग पोंगेनर 40

गुरू सांग्युसांग पोंगेनर हाणें आओ-नागा लोककला आनी संस्कृतीक परंपरा तिगोवन दवरपाक आनी तिचो प्रसार करपाक स दशकां परस चड काळ ओंपला ताणी दोन हजारांवयर तरणाट्या कलाकारांक प्रशिक्षण दिलां आनी शंभरापरस चड अप्रेंटिसांक मार्गदर्शन केलां तांच्या कार्यक लागून तांकां २०२६ वर्सात भारताचो चवथो सर्वोच्च नागरी सन्मान पद्मश्री पुरस्कार फावो जाला.

**byte**

न्यूज 70

प्रधान नरेंद्र मोदीच्या दूरदर्शी फुडारपणाखाल आणि 'सबका साथ, सबका विकास, सबका विश्वास आणि सबका प्रयास' या तत्त्वांच्या आधारान फाटल्या १२ वर्षांत उल्लेखनीय परिवर्तन जाला. या काळात मोदी सरकारान गरीब,

शेतकार, बायला आणि युवच्या कल्याणा खातीर आनी सक्षमीकरणा खातीर खुपशे महत्त्वपूर्ण उपक्रम राबयल्यात. 'आकाशवाणी न्यूज' तुमच्या खातीर '१२ वर्सा- विश्वासाची , विकासाची आणि जनकल्याणाची ' हो खासा कार्यक्रम घेऊन येता. आजच्या कार्याव्लीत देशचे सांस्कृतिक दायज बळकट करपाक आणि ते मनोवपाक सरकारन उबारील्या पावलांर लक्ष केंद्रित करतले

परिसंवाद 70

हेडक्वार्टर्स इंटिग्रेटेड डिफेन्स स्टाफ' आणि 'सेंटर फॉर जॉइंट वॉरफेअर स्टडीज' यांच्या जोडपालवान आयोजित दोन दिसांचो परिसंवाद नवी दिल्लीत संपन्न जालो. 'एमएसएमई आणि स्टार्ट-अप्स खातीर संरक्षण क्षेत्रातील खरेदी प्रक्रिया, iDEX, TPCR आणि चाचणी प्रक्रियांचे सुलभीकरण' हो या परिसंवादाचो मुख्य विषय आशिल्लो. संरक्षण क्षेत्रातली खरेदी आणि नवोपक्रम परिसंस्थेमदी उद्योगांचो सहभाग वाडोवप हो हेत. संरक्षण मंत्रालयान दिल्या माहितीप्रमाण या परिसंवादात १५० हून चड स्टार्ट-अप्स आणि एमएसएमई, तसेच १० व्हेंचर कॅपिटलिस्ट आणि संरक्षण क्षेत्रातले वेगवेगळे भागधारक सहभागी जाल्ले.

क्रिकेट - 55

भारत आनी अफगाणिस्तान पंगडामदल्या तीन एकादिसाच्या आंतरराश्ट्रीय क्रिकेट खेळामाळेतलो पयलो खेळ आयज हिमाचल प्रदेशातल्या धरमशालात जातलो. हो खेळ दनपारा १:३० क सुरू जातलो. हे खेळामाळे आदीच विराट

कोहलीक दुखापत जाल्ल्यान तो पंगडात ना. शुभमन गिल भारतीय पंगडाचे फुडारपण सांबाळतलो.

सिंधु 40

आयज सिडनींत जावपी ऑस्ट्रेलियन ओपन सर्तीच्या बायलांच्या एकोडी सर्तींत भारताची पीव्ही सिंधु, जपानाची संवसारीक विजेती अकाने यामागुची हांचे आड खेळतली. तिसऱ्या मानांकित भारतीय खेळगड्यान उपांत्यपूर्व फेरयेत फक्त 27 मिनटांनी चेन सु यूचेर एकतर्फी जैत मेळोवन निमाण्या चारांत आपली सुवात निश्चित केली.

हवामान 30

भारतीय हवामान खात्यान आयज आसाम आनी मेघालयांत व्हड ते \पावस पडपाचो अदमास काडला. कोंकण, गोंय, आंध्र प्रदेश, आंतरीक कर्नाटक, तेलंगणा, लक्षद्वीप, तमिळनाडू, पुडुचेरी आनी कराईकल हांगाय अशीच परिस्थिती येवपाची शक्यताय आसा.